नो पार्किंगेंत वाहनां दवरतल्यांचेर जातली कारवाय

मोरजी ग्रामसभेंत निर्णय, जिल्लो पंचायत वांगडी सतीश शेटगांवकार हांची उपस्थिती

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पेडणें : नो पार्किंगेंत वाहनां दवरतल्यांचेर कारवाय करपाचे तशेंच मुख्य रस्त्याचेर आनी दर्यादेग वाठारांतल्या नो पार्किंगाच्या सुवातांनी गाडयो पार्क करतल्यांचेर कारवाय करपाचे मोरजी ग्रामसभेन संकेत दिल्यात. ते भायर रस्ता कुशीक लायिल्ले हॉटेलांचे तकटे काडपा खातीर तांकां पंदरा दिसांची मुजत दिल्या. जिल्लो पंचायत वांगडी सतीश शेटगांवकार हांणी हे ग्रामसभेक हाजिरी लावन जिल्लो पंचायत निधीचो वापर विकास कामां खातीर करचो अशें आवाहन केलें.

मोरजेची ग्रामसभा सरपंच मुकेश गडेकार हांचे अध्यक्षताये खाला जाली. ह्या वेळार माचयेर पंच वांगडी स्वप्निल शेटगांवकार, पंच सुरेखा शेटगांवकार, पंच रजनी शिरोडकार, पंच मयुर पोके, पंच सुप्रिया पोके, पंच विलास मोरजे, पंच फटू शेटगांवकार, जिल्लो पंचायत वांगडी सतीश शेटगांवकार, पंचायत सचीव धाऊसकार आदी हाजीर आसले.

सुरवातीक सरपंच मुकेश गडेकार हांणी येवकार दिलो. पंचायत सचीव धाऊसकार हांणी फाटले ग्रामसभेचो इतिवृत्तांत वाचून कायम केलो. फाटले ग्रामसभेक थळावे आमदार जीत आरोलकार हाजीर आसले. आयज पयलेच फावटीं मोरजी जिल्लो पंचायत वांगडी सतीश शेटगांवकार ग्रामसभेक हाजीर आसले.

विकास कामां खातीर सगल्यांनी एकवटान काम करचें. विकास कामांची वळेरी तयार करची. हीं विकास कामां जिल्लो पंचायत निधींतल्यान जावचीं. एका जिल्लो पंचायत वांगड्याक वर्साक पस्तीस लाख रुपयांचो निधी विकास कामा खातीर मेळटा. पंचायत मंडळान विकास कामांची वळेरी दिवची. चर्चे खातीर आपोवचें. आमी सगले एक जावुया आनी विकास कामां टप्प्याटप्प्यान मुखार व्हरूया अशें सतीश शेटगांवकार हांणी ग्रामस्थांक आनी पंचायत मंडळाक सांगलें.

मोरजी पंचायत वाठारांत पंडित हे सुवातेर एक पोरणो मिनी पूल आसलो. तो मिनी पूल सध्या बंद आसा. त्या पुलाची दुरूस्ती कित्याक जायना असो प्रस्न ग्रामस्थांनी केलो.

ग्रामस्थ तुकाराम शेटगांवकार हांणी मोरजी पंचायत वाठारांतल्या ज्या घरांनी लोक बेकायदेशीरणान भाड्यान रावतात तांचेर कारवाय कोण करतलो असो प्रस्न केलो. गांवांत जायत्या सुवातांनी जायरातींचे तकटे लायल्यात आनी अतिक्रमण केलां. तांचेर कारवाय जावंक जाय अशेंय तुकाराम शेटगांवकार हांणी सांगलें.

दीपक शेटगांवकार हांणी पंचायत वाठारांतल्या स्पीडब्रेकरांचो प्रस्न मांडलो आनी स्पीडब्रेकरांचेर रंग मारचो अशी विनंती केली. सरपंच मुकेश गडेकार हांणी स्पीडब्रेकरांक रंग मारतले म्हणपाचें उतर दिलें.

रस्त्याचे कुशीक जे जायरात तकटे आसात ते काडपाक पंदरा दिसांची मुजत दितले. नो पार्किंगेंत जे गाडयो पार्क करतात तांचेर ट्राफीक पुलिसां वरवीं कारवाय करतले अशी म्हायती मुकेश गडेकार हांणी दिली.

मोरजी पंचायत वाठारांत रस्ताद गोरवां आसात. गोरवांच्या धनयांनी तांचो बंदोबस्त करचो. नाजाल्यार हीं सगलीं गोरवां सिकेरी गोशाळेक दितले अशी शिटकावणी मुकेश गडेकार हांणी दिली. हे आदीं 55 गायो धरून गोशाळेक दिल्यात अशेंय गडेकार हांणी स्पश्ट केलें.

विद्या प्रसारक हायस्कूल वाठारांतल्या मदल्यावाड्यार राष्ट्रीय देवस्थान वाठारांत हॉटेलां आसात. ह्या हॉटेलांनी येवपी गिरायकां आपलीं वाहनां रस्त्याचेरूच दवरतात आनी येरादारेची कोंडी जाता. तांचेर कारवाय करची अशी मागणी ग्रामस्थांनी केली. गांवांत जितले भाडेकार आसात तांची पुराय म्हायती धनयांनी पंचायतीक आनी पुलिसांक दिवची अशी सुचोवणी दीपक शेटगांवकार हांणी केली. सोनू शेटगांवकार हांणी रस्त्या वयल्या रस्ताद सुण्यांचोय बंदोबस्त करचो अशी मागणी केली. ह्या वेळार पंचायतीन अर्थीक बजेट सादर केलें.

मोरजी ग्रामसभेंत उलयतना जिल्लो पंचायत वांगडी सतीश शेटगांवकार. कुशीक सरपंच मुकेश गडेकार आनी हेर मानेस्त. (निवृत्ती शिरोडकार)

कुमारजुवेंच्या कृशी सेतूचें उक्तावण

भाजप राजवटींत शेतकारांच्या कल्याणाच्यो येवजण्यो: मुख्यमंत्री

कृशी सुतूचें लोकार्पण करतना मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत, वांगडा आमदार राजेश फळदेसाय, नंदकुमार शेट, सुरेंद्र नायक, महेश देसाय, नीलेश शिरोडकार, लक्ष्मण रायकार

माशेल: गोंय राज्य पायाभूत उदरगत म्हामंडळान (जीएसआयडीसी) तीन कोटी रुपये खर्च करून बांदल्ल्या कुमाजुवें हांगच्या कृशी सेतूचें मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हाचे हस्तुकी शेनवारा उक्तावण केलें. 50 मीटर लांबायेच्या ह्या पुलाचो उपेग कुमारजुंवे आनी आशी-कुशीच्या वाठारांतल्या शेतकारांक शेतांनी ट्रक्टर व्हरपाक उपेग जातलो. भाजपा सरकाराचे राजवटींत केंद्र तशेंच गोंय सरकारान शेतकारांच्या कल्याणाच्यो जायतो येवजणे चालीक लायल्यान अशें मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार सांगलें.

पूल उक्तावण कार्यावळीक कुमारजुवेंचो आमदार राजेश फळदेसाय, कुमारजुवेंचो सरपंच नंदकुमार शेट, पंच वांगडी सुरेंद्र नायक, लक्ष्मण रायकार, नीलेश शिरोडकार, महेश देसाय आनी शेतकार हाजीर आशिल्ले. देशांतल्या शेतकाराचें प्रश्न सुटावे करपा खातीर पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हाणी चलयल्ल्या यत्नाची व्हो पूल म्हणल्यार एक देख आसा अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोयांत अटल सेतू, ज्ञानसेतू, योग सेतू आनी आतां कृशी सेतू अशे चार सेतू आसात. शेतकारांनी तीन कोटी रुपया मोलाचें कृशी उत्पन्न घरा हाडले जाल्यारूच ह्या पुला खातीर केल्लो खर्च भरून येतलो. शेतकारांनी त्या खातीर वेगवेगळी पिका घेवपाक सुरवात करपाक जाय. पुलाच्या सैमीक वाठारांत प्री व्हेडींग तशेंच सैम फोटोग्राफीक वाव मेळटलो. खारफुटी आनी पर्यावरणा कडेन पर्यटक आकर्शीत जावपाक शकतात अशें ताणे सांगलें.

पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हाच्या फुडारपणा खाला आमचो देश आत्मनिर्भर आनी स्वयंपूर्ण जावपाक लागला. तरणाट्यांनी कृशी, नुस्त्ये. दूद, फळां उत्पादन घेवपाच्या कामाक लागपाक जाय. कुमारजुवें मतदारसंघात कृशी म्हाविद्यालय उबारतात. गोंयांत पशुवैजकी आनी मत्स्य म्हाविद्यालय स्थापन करपाचो विचार आसा अशी म्हायती डॉ सावंत हाणे दिली आनी गोंय स्वयंपूर्ण करपाच्या कामाक सरकाराक सहकार्य करपाचें आवाहन केलें.

कुमारजुवें कृशी सेतूचो लाब पुलाच्या तीन लाख चौखण मीटर वाठारांत आशिल्ल्या 62 शेतकारांक जातलो अशें आमदार राजेश फळदेसायान सांगलें. जायती शेतां सध्या पडंग दवरल्यांत. पुलाक लागून ते कसपाच्या कामाक शेतकार लागतले असो विस्वास ताणे उक्तायलो. कृशी उत्पादनां बाबतींत राज्याक आत्मनिर्भर करपा खातीर तरणाट्यांनी कृशी वेवसायांत पावलां घालपाक जाय. सरकारा कडल्यान तांका जाय ती मजत मेळटली अशेंय ताणे सांगलें.

विद्यार्थ्यांक मुफत संगणक प्रशिक्षण दितले

डिलायला लोबो : आसगांवां गुणी विद्यार्थ्यांचो भोवमान सुवाळो

आसगांवां गुणी विद्यार्थ्यांचो भोवमान करतना आमदार डिलायला लोबो. कुशीक पंचायत मंडळ. (जयेश नायक)

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

शिवोली : विद्यार्थ्यांना बरें शिकून व्हड जावचें. तांकां कांयच उणे पडचें ना हाची आमी जतनाय घेतले. विद्यार्थ्यांक संगणक प्रशिक्षण घेवपाचें आसत जाल्यार तांकां मुफत संगणक प्रशिक्षण दिवपाची तजवीज केल्या अशी म्हायती आमदार डिलायला लोबो हांणी दिली.

आसगांव पंचायत वाठारांतल्या गुणी विद्यार्थ्यांचो भोवमान सुवाळो हालींच पंचायत सभाघरांत जालो. ह्या वेळार आमदार डिलायला लोबो हांणी मुफत संगणक प्रशिक्षणाची घोशणा केली.

शिवोली आनी कलंगूट विधानसभा मतदारसंघांतल्या विद्यार्थ्यांक मुफत संगणक प्रशिक्षणाचो लाव जातलो अशेंय आमदार लोबो हांणी स्पश्ट केलें.

फाटलीं सेगीत तीन वर्सां मतदारसंघांतल्या सगल्या पंचायत वाठारांतल्या गुणी विद्यार्थ्यांचो भोवमान करतात. हे फुडेंय हें कार्य अशेंच चालू उरतलें अशें आमदार डिलायला लोबो हांणी सांगलें.

पंचायत वाठारांतले उदकाचे, लायटीचे आनी रस्त्याचे प्रस्न सोडयतले अशेंय उतर आमदार लोबो हांणी दिलें.

सरपंच हनुमंत नायक हांणी येवकार दिलो. आमदार लोबो हांचे खातिरूच ह्या गांवांतल्या पंचायत वाठारांनी कितलींशींच विकास कामां जावंक पावल्यांत अशें सरपंच हनुमंत नायक हांणी सांगलें.

उपसरपंच सोनिया नायक हांणी उपकार मानले.

बारावी परिक्षा : वास्को केंद्राची बसका वेवस्था

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मुरगांव : गोंय शालांत मंडळाचे बारावी परिक्षेक 28 फेब्रुवारी सावन सुरवात जाता. वास्को केंद्राची बसका वेवस्था सेंट ॲण्ड्रयू उच्च माध्यमीक विद्यालय, एम. ई. एस. उच्च माध्यमीक, केशव स्मृती उच्च माध्यमीक विद्यालय आनी दीपविहार उच्च माध्यमीक विद्यालय ह्या विद्यालयांनी केल्या अशी म्हायती केंद्राचे मुखेल प्रमोद सुर्लकार हांणी दिली. अदीक म्हायती खातीर 9822133779 ह्या मोबायलाचेर संपर्क सादचो अशें कळयलां.

बसका वेवस्था अशी आसा : विज्ञान फांटो : सेंट ॲण्ड्रयू उच्च माध्यमीक विद्यालय, वाडें - वास्को (बसका क्र. 59914 ते 60290) आनी 67664, 67762, 68085 ते 68107.

वाणिज्य फांटो : एम. ई. एस. उच्च माध्यमीक विद्यालय, झुआरीनगर (बसका क्र. 59455 ते 59913, 67657, 67758, 67760 आनी 68060 ते 68084). कोंकणी, मराठी, पुर्तुगेज 2, फ्रेंच 2 परिक्षा दिवपी विद्यार्थ्यांची बसका वेवस्था हांगाच्या सेंट ॲण्ड्रयू उच्च माध्यमीक विद्यालयांत जाल्यार टुरिझम ॲण्ड हॉस्पिटॅलिटी, इलेक्ट्रॉनिक्स इन्स्टोलेशन टेक्निशियन आनी पॉलिटीकल सायन्स हे विशय घेतिल्ल्या विद्यार्थ्यांची दाबोळेच्या केशव स्मृती उच्च माध्यमीक विद्यालयांत केल्या.

कला फांटो : केशव स्मृती उच्च माध्यमीक विद्यालय, दाबोळी : बसका क्र. 59142, 59150 ते 59454 आनी 68046 ते 68059. कोंकणी 2, मराठी 2, पुर्तुगेज 2, फ्रेंच 2 आनी सायकोलॉजी विशय घेतिल्ल्या विद्यार्थ्यांची बसका वेवस्था वाडेंच्या सेंट ॲण्ड्रयू उच्च माध्यमीक विद्यालयांत केल्या.

वेवसायीक फांटो : दीपविहार उच्च माध्यमीक विद्यालय, हेडलॅण्ड सडा, मुरगांव : बसका क्र. 59144 ते 59149. 60291 ते 60505, 67509, 67759, 67761, 68108 ते 68113.

मंत्री सुभाष फळदेसाय हांचेर हल्लो केल्ल्यांचेर कडक कारवाय करात

गोमंतक क्षत्रीय मराठा समाजाचे साबार बसकेंत मागणी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: अखील गोमंतक क्षत्रीय मराठा समाज संघटनेचो आदलो सचीव समाज भाव समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हाचेर छत्रपती शिवाजी महाराजाच्या पुतळ्याचें अनावरण करतना सां जुझे दे एरियल हांगा जो हल्लो आनी फातर शेवटून मारपाचो जो प्रकार जालो ताचो समाजाच्या वर्सुकी साबार बसकेंत निशेध केलो. जांणी व्हो हल्लो केलो तांचेर खर कारवाय करपाची मागणी करपी थाराव हे बसकेंत मानून घेतलो.

सगलो समाज फळदेसाय हाच्या फाटल्यान आसा. हल्लो करपाचे प्रकार समाज सोसून घेवचो ना. जश्याक तशी जाप दिवपाक समाज समर्थ आसा. छत्रपती शिवाजी महाराज हे क्षत्रीय मराठा समाजाचें आराध्य दैवत आसा. कोणेय तांचो अपमान करपाचो यत्न केल्यार ताचें गंभीर परिणाम जातले अशें .बसकेंत स्पश्ट केलें. सुभाष फळदेसायाचेर हल्लो केल्ल्यांचेर जे गुन्यांव नोंद केल्यात ते फाटीं घेतल्यार समाज ताका फावो ती जाप दितलो अशी शिटकावणी सांबार बसकेंत सगल्या संबंदितांक दिल्या.

क्षत्रीय मराठा समाजा संघटनेची साबार बसका आयतारा पर्वरीच्या समाजाच्या संकुलांत सुहास फळदेसाय हाचे येजमानके खाला जाली. समाजाच्या संकुलाचें काम पुराय करपाचो तशेंच समाजाच्या वांगड्याचो आंकडो वाडोवपाचो थाराव ह्या वेळार पास केलें. समाजाची जाती निहाय जनगणान करपाच थाराव लेगीत मानून घेतलो. वर्सुकी साबार बसकेक समाज भाव व्हडा संख्येन हाजीर आशिल्ले.

अखील गोमंतक क्षत्रीय मराठा समाजाचे साबार बसकेर हाजीर आशिल्ले समाज भाव

कुडकांतले व्यक्तीक 70 लाखांक फटयली

म्हापशें: भारतीय टेलिकॉम रेग्युलेटरी प्राधिकरणाचे अधिकारी आशिल्ल्याचें सागून आनी मालाड- मुबय पुलीस स्टेशनांत गुन्यांन नोंद आशिल्ल्याचें सागून कुडका- बांबोळी हागचे एके व्यक्तीक 70 लाख रुपयांक लुटपाचो प्रकार घडलो. ह्या प्रकरणांत एका मोबायलधारका आड सायबर गुन्यांव विभागांत गुन्यांव नोंद केला.

व्हो प्रकार 26 जानेवारी तें 3 फेब्रुवारी मजगतीं घडलो. फिर्यादी एम श्रीधर हाणे ते संबंदी कागाळ केल्या. दुबावितांनी श्रीधर हाचे कडेन संपर्क सादून ते भारतीय टेलिकॉम रेग्युलेटरी प्राधिकरणाचे अधिकारी आशिल्ल्याचें सांगलें. तुमच्या आधारकार्डाचो वापर करून तशेंच मोबायल नंबरा वयल्यान जायत्या जाणांची जायरातीच्या माध्यमांतल्यान फटवणूक चल्ल्या अशें ताका सागून तुमच्या आड मुंबय क्रायम ब्रांच आनी मालाड पुलीस स्टेशनांत गुन्यांव नोंद जाल्या अशें सांगलें. मुंबय पुलिसाच्या बनावट वळखपत्राचो वापर केला .

ह्या गुन्यांवातल्या सोडोयतां अशें सांगून श्रीधर हाचे कडल्यान 70 लाख रुपये ताच्या बँक खात्यांतल्यान घेतली. आपली फटवणूक जाल्ल्याचें लक्षांत येतगीर ताणे सायबर गुन्यांव विभागांत कागाळ केली. पुलिसांनी आयपीसीच्या 419, 420 आनी आयटी कायद्या खाला गुन्यांव नोंद केला. पुलीस निरीक्षक सतीश पडवळकार फुडली चवकशी करता.

हडफड्यांत नायजेरियना कडल्यान 74.75 लाखांची घुंवळी वखदां जप्त

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: गोंय पुलिसांच्या घुंवळी वखदा विरोधी पंगडान (एएनसी) हडफड्या हांगा छापो घालून इनोसेंट ओरेझुवानू अनारमेम (56) ह्या नायजेरीयन नागरिकांक अटक केली. ताचे कडेन आशिल्लीं 74 लाख 75 हजाराची (480 ग्राम कोकेन, 15 ग्राम एक्स्टसी पावडर आनी 250 ग्राम चरस) घुंवळी वखदां जप्त केली.

हडफड्यांत एक विदेशी नागरीक घुंवळी वखदांची तस्करी करपाक येतलो अशी म्हायती एएनसीक मेळल्ली. पुलिसांच्या पंगडान फाटल्या शेनवारा दनपारां 3.45 तें सांजे 7.15 मजगतीं टेळणी सुरू केली. एक नायजेरियन संबंदीत सुवातेर फिरता तें पळोवन पुलिसांक दुबाव आयलो. ताणी चवकशी केली तेन्ना तो ड्रग पेडलर आशिल्ल्याचे सिद्ध जालें. ताची झडटी घेतली तेन्ना घुंवळी वखदां सांपडली. उपनिरीक्षक प्रियांक गारुडीन ताचे आड गुन्यांव नोंद केलो. म्हापशें न्यायालयान ताका 6 दिसांची पुलीस कायद दिल्या.

अनारमेम हाचे आड व्हो चवथो आनी ड्रग्ज तस्करींतलो पयलो गुन्यांव आसा. 1 नोव्हेंबर 2013दिसा पर्वरी नायजेरियन नागरिकांनी राष्ट्रीय म्हामार्ग आडावन राडा केल्लो. तातूंत ताचो आसपाव आशिल्लो. ताका म्हापशेंच्या डिटेनशन केंद्रांत दवरल्लो. थंय ताणे एका कर्मचाऱ्याक मारपेट केल्ली. मजगतीं एएनसीन फाटल्या दोन म्हयन्यांत चार गुन्यांव नोंद करून 1.58 कोटी रुपया मोलाची घुंवळी वखदां जप्त केलीं.

पिळर्णां फ्लॅट फोडून 10.40 लाखांची चोरी

पर्वरी पुलिसांनी अनवळखी व्यक्ती आड गुन्यांव केला नोंद

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: पिळर्ण हांगा शेनवारा दिसाच्या उजवाडांत फ्लॅट फोडून 1.40 लाखाचे दागिने आनी हेर वस्तू मेळून 10 लाख 40 हजार रुपयांचो चोरी जाली. पर्वरी पुलिसांनी अनवळखी व्यक्ती आड गुन्यांव नोंद करून तपास सुरू केला.

पर्वरी पुलिसानी दिल्ले म्हायती प्रमाण शकीर नायक हाणे चोरयेची कागाळ केल्या. ताचो पिळर्ण हांगा फ्लॅट आसा.

शेनवारा सकाळीं 10 तें साजें 7.15 मजगती फ्लॅटांत कोण ना हाची संद घेवन फ्लॅटाचे मुखेल दार फोडून चोरांनी भितर प्रवेश केलो आनी 1 लाख 40 हजार रोख, 40 ग्रामाची भांगराची दोन कांकणा, 70 ग्रामाचें मंगळसूत्र, 25 ग्रमाचे आनीक एक मंगळसूत्र, 1 भांगरा काकण, एक जोडी कानांतले, तीन टायटन घड्याळां. दोन टॉमी हिलफिगर घड्याळां.

एक स्मार्ट घड्याळ आनी हेर दागिने चोरून व्हेले. निरीक्षक राहुल परब हाच्या मार्गदर्शना खाला उपनिरीक्षक सखाराम मळीक तपास करता.

ADITYA BIRLA CAPITAL
संरक्षण गुंतवणूक वित्त पुरवठो सल्ला दिवप
आदित्य बिर्ला फायनान्स लिमिटेड

नोंदणीकृत कचेरी: इंडियन कम्पावण्ड, वेरावल, गुजरात 362266
कॉर्पोरेशन कचेरी: आर-टेक पार्क, 10वो माळो, निर्लोन संकूल, पश्चीम एक्सप्रेस वे,, गोरेगांव, पूर्व - मुंबय - 4000063.

परिशिष्ट-IV-ए

[सुरक्षा व्याज अंमलबजावणी नेम, 2002 च्या नेम 8(6) आनी नेम 9(1) ची तरतूद पळयात] जंगम मालमत्तेची विक्री करपा खातीर विक्री सुचोवणी

सुरक्षा हित (अंमलबजावणी) नेम, 2002च्या नेम 8 (6) आनी नेम 9 (1) च्या तरतुदी सयत वाचिल्ल्या अर्थीक मालमत्ता आनी सुरक्षा व्याज अंमलबजावणी कायदो 2002 अंतर्गत स्थावर मालमत्ताचे विक्री खातीर ई-पावणी विक्री कळोवणी (2002 चो 54).

हे वरवीं सामान्य भौसाक आनी विशेशत: रिणकार, जोड रिणकार आनी गहाणदार हांकां नोटीस दिता की सकयल वर्णीत केल्ली स्थावर मालमत्ता सुरक्षीत रिणाकारान गहाण दवरल्या, जाचो भौतीक ताबो आदित्य बिर्ला फायनान्स लिमिटेडच्या अधिकृत अधिकाऱ्यान 21.08.2023 दिसा घेतल्या. **रिणां घेवपी/ सह-रिणाकार/ गहाण घेवप्यां कडल्यान म्हळ्यार लिबॉक्स केम (इंडिया) प्रायव्हेट लिमिटेड (ताचो प्रशासक श्री राम रतन कानूंगो वरवीं), श्री अरविंद मनुभाई मेहता, श्री शेशमल भाटिया आनी श्री दिनबंधु दिलीप शेठ हांचे कडल्यान. 3,32,48,319.04 रुपया (तीन कोटी बत्तीस लाख अठ्ठेचाळीस हजार तिनशें एकोणीस रुपया, चार पयशें फकत) वसूल करपा खातीर 03.04.2024 दिसा "जशें आसा तें आसा", "जशें आसा तें आसा", आनी "जशें आसा तें आसा" ह्या आदाराचेर ई-निलावा वरवीं विकतले. हातूंत 22.08.2022 दिसा मेरेन देय आनी फुडलें कळंतर आनी ताचे वयलो हेर खर्च हाचो आस्पाव आसा.**

स्थावर मालमत्तेचें राखीव मोल (जाचें वर्णन सकयल दिल्लें आसा) रु. 4,75,97,083 आसा (चार कोटी पंच्चाहत्तर लाख सत्याणव हजार त्रेयांयशी रुपया फकत) आनी अर्नेस्ट मनी डिपॉझिट रक्कम रु. 47, 59, 708.3 (सत्तेचाळीस लाख एकूण साठ हजार सातशें आठ रुपया आनी तीन पयशें)

स्थावर मालमत्तेचें वर्णन

कुंडय उत्तर गोंय, माशेल, गोंय - 403 115 हांगा कुंडय उद्देगीक वसणूक, 4000मी2 व्यासाचो प्लॉट क्रमांक 112, आनी 1360मी2 व्या प्लॉट क्रमांक 112 कडेन लागसारचो वाठार सकयल दिल्ल्या प्रमाण:

उदेंते वटेन : गोंय आयडीसी अंतर्गत रस्तो
अस्तंते वटेन :प्लॉट क्रमांक 113/114
उत्तरे वटेन : गोंय आयडीसी अंतर्गत रस्तो
दक्षिणे वटेन : प्लॉट क्रमांक112

इमारतीक कायमचे जोडिल्ले सगळे गहाण दिवपी प्लांट आनी यंत्रणा आनी ताचेर बांदपाची/बांदपाची आनी धर्तीरक जोडिल्ली वा धर्तीरक जोडिल्ली खंयचीय बांदावळ.

विक्रीचे सविस्तर नेम आनी अटी खातीर, उपकार करून सुरक्षीत रिणकाराच्या संकेतथळार दिल्ल्या दुव्याचो संदर्भ घेयात म्हळ्यार https://mortgagefinance.adityabirlacapital.com/Pages/Individual/Properties-for -Auction--under-SARFAESI-Act.aspx वा https://sarfaesi.auctiontiger.net

तारीख: 26.02.2024
सुवात: गोंय

सय/-
अधिकृत अधिकारी,
आदित्य बिर्ला फायनान्स लिमिटेड

पेडणें म्हाल गुन्यांवकारी मुक्त करतले: जिवबा दळवी; केरी - पेडण्यां सत्कार सुवाळो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पेडणें : पेडणें म्हाल गुन्यांवकारी मुक्त करपा खातीर यत्न करतलों अशें उतर पेडणें पुलीस स्टेशनाचे उपअधिक्षक जिवबा दळवी हांणी दिलें.

केरी - पेडण्यां आयोजीत केल्ल्या एका सत्कार सुवाळ्यांत जिवबा दळवी मुखेल सोयरे ह्या नात्यान उलयताले.

पेडणें म्हालांतली निमाणी आनी नामनेची जात्रा श्री देव आजोबा जात्रे निमतान समाज कार्यकर्ती आनी शिक्षिका नीला केरकार आनी डॉ. बंशिधर तळकर हांचो जिवबा दळवी हांचे हस्तुकीं सत्कार जालो. ह्या वेळार जिवबा दळवी उलयताले.

केरी - पेडण्यां आयोजीत केल्ल्या सत्कार सुवाळ्यांत उलयतना पेडणें पुलीस स्टेशनाचे उपअधिक्षक जिवबा दळवी. कुशीक माचयेर हेर मानेस्त. (मकबूल माळगीमनी)

ह्या वेळार माचयेर जिवबा दळवी हांचे वांगडा केरी आजोबा देवस्थान समितीचे वांगडी शिवानंद तळकर, प्रताप तळकर, कमलाकांत तळकर, प्रकाश तळकर, सुरज तळकर, योगेश तळकर, सत्कारमुर्ती नीला केरकर आनी डॉ. बंशिधर तळकर आदी मानेस्तांची उपस्थिती आसली.

आयुश्यांत शिक्षण खूब म्हत्वाचें आसता. येस सहज मेळना. ताका कश्ट, मेहनत, परिश्रम लागता. तरणाट्यांनी मेहनत करपाची तयारी दवरूंक जाय अशें आवाहन जिवबा दळवी हांणी केलें.

विद्यार्थ्यांनी जितलें शिक्षण मेळटा तितलें घेवचें आनी आपल्या ज्ञानांत भर घालची. जिणेंत संकश्टां येतात, तांकां तोंड दिवपाची तयारी दवरची. देवाचेर विस्वास दवरून फुडें पावलां मारचीं अशें दळवी हांणी सांगलें.

आपल्या आवयबापायन आपणाक वयर काडपा खातीर जे कश्ट काडल्यात, ते विसरूंनाकात. आपलो भुरगो नांव मेळयतलो हे आशेन तीं रावतात. तांकां तांच्या कश्टाचें फळ दियात. तांकां निर्शेवं नाकात अशें आवाहन तांणी केलें.

आयज तुमकां जिवबा दळवी दिसता. लोक म्हजो आदर करतात. हो आदर म्हाका म्हज्या देवाच्या आशिर्वादान आनी आवयबापायच्या परिश्रमाक लागून मेळ्ळा अशें सांगून जिवबा दळवी हांणी शिक्षणाक लागून मनशाचें आयुश्य आनी परिस्थितीय बदलता हें मतींत घेवन खूब शिकात असो विद्यार्थ्यांक उलो मारलो.

सुरवातीक शुभ्रा तळकर हांणी मुखेल सोयऱ्यांक फुलांतुरो दिवन येवकार दिलो. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन कमलाकांत तळकर हांणी केलें. शरद तळकर हांणी उपकार मानले.